मुक्तरंग
- सरस्वती दामोदर नायक

सौ. सरस्वती दामोदर नायक
हांचेकडून [illegible]
भेट

मुक्तरंग

सरस्वती दामोदर नायक

अपूर्व पब्लिकेशन

मुक्तरंग

सरस्वती दामोदर नायक

Muktarang

By Saraswati Damodar Naik

प्रकाशक :

संजीव वेरेंकार

अपूर्व पब्लिकेशन ॲण्ड डिस्ट्रीब्यूटर्स

सावयवेरें, फोंडें - गोंय.

मुखचित्र :

सरस्वती दा. नायक

अक्षर जुळणी :

जय नायक

भाटलें-पणजी.

छापपी :

सह्याद्री ऑफसेट सिस्टम,

खोर्ली - गोंय.

पयली उजवाडावणी :

जानेवारी 2009

मोल : 50 /- रुपया.

हें पुस्तक गोवा कोंकणी अकादेमीचे

'पयलो चंवर अर्थीक पालव' येवजणेखाला छापलां.

म्हजे सासूमायन (मावशीबाय)
दिल्ल्या उपाट मोग आनी
तिच्या सहवासांतल्या उगडासांक...

- सरस्वती

मनांतलें

हांव रंगपिशें, म्हाका भुलयता दरेक खिणाक रंग बदलपी मळब, पाचव्या विविध रंगछटेन दोळ्यांक तृप्त करपी सैम, रंगरंगयाळीं फुलां, सवणीं, सावजां, निळ्या -पाचव्या जलाशयांतलीं चकचयाळ नुस्तीं आनी खिणाखिणाक बदलपी मनशाच्या काळजांतलो अथाव भाव. हे रंग हांव सरसर दोळ्यांत साठयतां, म्हज्या काळजाक जागयतां आनी लिखणेंतल्यान उधळीत वतां 'मुक्तरंग.' म्हजे हे 'मुक्तरंग' कोणाक भावतीत काय? विचारांती कांय रंग ल्हवूच दिसाळीं - आंकानी शिंपडले. 'मुक्तरंगां' क एकाच कॅनव्हासाचेर पितारूंक आदार दिलो 'गोवा कोंकणी अकादेमीन' आपले 'पयलो चंवर' हे येवजणेखाला. अपूर्व प्रकाशनान छापणावळीची जापसालदारी सांबाळ्ळी. तांचे हांव उपकारी. 'मुक्तरंग' उधळटना आडी -चिरी - मात्रेचे कांय रंग विस्कटीत जाल्ले. तांका वेवस्थीत जाग्यार बसोवपाचें काम केलें आमचे इश्ट, कोंकणीभक्त अतुलबाब पंडित हांणी. तांच्या हांव सासणाचें रिणांत. 'मुक्तरंगा' न म्हजे काळीज रंगयलां. तुमच्याय काळजांत खासयेचीं रंग उधळण जावची होच म्हजो हावेस !

- सरस्वती दा. नायक

'श्रीस्वस्ति'

सिंपाल-सांकवाळ.

फोन : 2550530.

'मुक्तरंगा' ची उधळण

'नातें इश्टागतीचें आसता
रगताच्या नात्यापरस दाट
सूख-दुख्खांच्या धाग्यांची
सोडयता ल्हवू गांठ'

हेच नातें पडट्या काळांत इश्टांखातीर गंध झरोवपी साण जाता.

सरस्वती नायकाच्या 'मुक्तरंगा' तल्या कवितांचे धागे उस्तीत वतना, ते केन्नाच काळजांत जाळें विणूक लागतात, आनी वाचकांक विचार करपाक लावपाची तांक 'मुक्तरंगा'त आसा म्हणपाचें जाणवत रावता.

कवियत्रीक सवण्यांनी लेगीत निर्शेवन एकाच जाग्यार ओग्गी बशिल्ले आवडना. ती तांकाय उडपाची उमेद जागोवपाचें आवाहन करून, आपलो फुडार आपणेंच घडोवपाचो म्हणपाची याद 'सवण्या पिला रे' हे कवितेंत करून दिता.

कवियत्री सैम- मोगी. म्हूण तिका 'हांसू कशें?
दोळ्यांतलीं दुकां पुसूं कशें?...' म्हणत
'...आतां ना कोणाचोच भरवंसो
म्हूण आटला म्हजो हांसो'

म्हणून मनशाच्या शीम- मेर नाशिल्ल्या बुरशेपणाचेर विटिल्ल्या तळ्याची व्यथा आपलीच कशी दिसता. तिका शारांतली बुरशी- उबगल्ली जिणूय आवडना. ती मागीर याद करीत रावता नितळ गांवांतल्या शितळ वाऱ्याची, बैलांची जोतां, तळ्यांतलीं धवीं फुल्ल साळकां, मळबांत रांगोळी गिरोवपी बक्यांचीं नाडेपेन्नां, न्हंयो -झरी हांची. गांव शारांनी बदलत आसात आनी आता आम आदमी आनी सुणो हांचेमदीं कशें अंतर उरूंक ना हाचें विदारक चित्र कवियत्री दोळ्यांमुखार पितारता.

''आम आदमी आनी
सुणो हांचमदीं
थोडेंच अंतर
दोगांयच्या गळ्यांत
आसतात सरपळ्यो
एकट्याची भांगराची,
दुसऱ्याची लोखणाची
एकलो अन्यायाआड
जाब विचारीना,
दुसरो विचारता
पूण, अन्याय करप्याक
समजना''

ह्या दगदगीच्या काळांत गरज म्हूण नोकरी करतल्या आवयच्या काळजाची आवतीकाय मांडटना कवियत्री एक विदारक सत्य दोळ्यांमुखार मांडटा. -

'भुरग्यांनो
ऑफिसांत
कामाच्या भोंवऱ्यांत
आसलें जरी
तुमची याद सतायता
तुमची जतनाय घेवंक
फोनावेल्यान
कामवालेक जागयतां''
जीणेंत आयिल्ल्या अणभवांचे खीण,
''खीण-खीण
ओंतात लिखणेंत
तुमचे बराबर
मातयेंत मेळचे आदीं
सासणाचे
दवरात यादीत''

म्हणत आपल्या अणभवांक कवितेंतल्यान वाट करून दिता. 'मनपिशें' ही वेगळीच, तरल भावनांचे तरंग दाखोवपी कविता.

''सायल्याच्या बनांत
कोगूळ गायता
मीर्ग गान
आपालिपा खेळून
झिरी-मिरी पानान''

कवियत्रीचो 'बरो विचार, सांबाळून दवर, म्हज्या पुता, शीण हे सारकिल्ल्या कवितांनी कवियत्रीक सामाजीक जाण आनी भान आसा म्हणपाचें जाणवता. जिणेंत आयिल्ल्या वायट बऱ्या अणभवांनी कवियत्री निर्शेवन वचना. ती आशावादी.

''उजळावन मनाचें
काळखे कुरकूट''

ती फुडाराचें सपन घडोवपाची आस्त बाळगिता, आनी आळवा पानांवेल्या थेंब्यावरी पानांक दसून मेळता तो खीण लिकलिकत भोगपाचो निश्चेव करता. सरस्वतीचें साहित्य मळावेलें पावल साहित्य रसिकांकूय आशावादी करता. ताणीं आपली साधना अशीच चालू दवरची हें मागणें.

- नयना आडारकार

मांडावळ

रानफूल (1)
मळब (2)
रानांतली वाट (4)
इंजीन गाडी (6)
मन म्हजें (8)
क्रोतोन (9)
सर्ग (10)
माकडाचें लगीन (11)
रातराणी (12)
अंतर (13)
पावसाचें गीत (14)
पानवेल (15)
वादळ (16)
नातें (18)
सॅझ (19)
सुरंगिणी (20)
मस्तो पावस (21)
पावस (22)
यो रे पावस मामा (23)
मोबायल (24)
घर (25)
तुळशी पेडार (26)
राजकुंवर (27)
यादी (28)
गांव (30)
कलयकार (32)
माड (34)
भान (35)
तिसरेकान्न (36)
सवळ्या पिलां (38)
नाग (39)
तळ्या-तळ्या (40)
ग्लोबलायझेशन (42)
पाडेली (44)
अशें घडत (46)
हे मना (47)
मोर लांडोर (48)
करणी (50)
नशीब (52)
न्हंयचें दुख्ख (53)

मांडावळ

यो रे यो रे मोरा (54)
उदक (56)
चवथ (58)
खीण (60)
हरयाळी (61)
मन पिशें मन (62)
अधिकार (64)
अस्तीत्व (65)
भुरग्यानो (66)
व्हडें (67)
ग्रहशांती (68)
ध्यास (69)
निश्चेव (70)
बरो विचार (71)
सल (72)
सैमचित्र (73)
जिणेचो अर्थ (74)
विस्वास (76)
म्हजी याद (78)
देवी (79)
झरो (80)
ल्हार (81)
वर्सा (82)
सांबाळून दवर (83)
शीण (84)
म्हज्या पुता (85)
रांगोळी (86)
इंद्रधोणू (87)
तू (88)
देव (89)
कृष्णा (90)
उठ गोंयकारा (92)
प्रिती (94)
उड रे पाख्या (95)
स्वातंत्र्य (96)
मनीस (98)
कुवाडें (100)
पावसाचें नाडेपेत्र (102)
कुड्डो मोग (103)
अधर्माचरण (104)
हांव (106)

रानफूल

भिजलें दवांत
रानफूल...
आपलेच मस्तेंत
गायलें
वाऱ्यान पोशेले पोले
तशें व्हंकल कशें
लजलें

नाचलीं शेतां
नाचलीं भाटां
लुसलुशीत हरयाळीर
लिकलिकलीं दंवा- थिकां

रानफुलाचें गीत
परमळ्ळें दिका -दिकांत
सुरांत भिजत सुर्याचीं
देंवलीं सकयल
'भांगरा वतां

मळब

मळबा, तुज्या कॅनव्हासाचेर
रंग जादवाचे
तांबशे - पिंगशे, सप्तरंगी
इंद्रधोणूचे

तुजी निळाय, तुजी उंचाय
तुज्या आंगार चलिल्ली
कापशी कुपांची चढाय
पळोवन मन म्हजें रंगून जाय

उदरांत तुज्या घेता जल्म
तांबडो - तांबडो गोल
उजवाडाचीं पाखां फुलयत
उमेदीची सकाळ झेलयत
मारता उदरगतीची ओल

राती तुज्या चंदेरी गोपांत
गोरोपिट्ट चंद्रीम बाळ
थकल्या - भागल्या जिवांक
न्हिदेचें पांगरूण घाल

धटींगणी काळ्यां कुपांची
तू एक रणभूंय
वीज सोडून, पावस झडोवन
करता पाचवीचार भूंय

रानांतली वाट

वताचे खरसाणेक
दोंगुल्ली व्हियेल्या
अमुरपिक्या फळांनी
तटतटीत भरल्या

रानांतले वाटेक
आतां फुटल्यात पांय
दोंगुल्लेक वेंगायता
नागमोडीं वळणां

रानांतली वाट
धांव - धांव - धांवता
पानांचे सावळेंत
लिपचेल्यांनी खेळटा

रानांतली वाट
खुणायता वाऱ्याक
पाचवे दोंगुल्लेर चडूंक
धरून व्हरता हाताक
घश्टून वता

भरिल्ले काजीक
कुरकुरीत खोले
वता माड्डीत

वसाड माळार
थारता जावन पुरो
तान भागयता पिवन
भट्टेतलो निरो

रानांतली वाट
काण्णाच्या कांट्यांनी
चोरता आंग
घुस्पत वता
घाणयारेच्या झोपान

रानांतली वाट
अशीच खेळटा खेळटा
वंयेनी दुरगांनी
दुत्त करून सांडटा

रानांतली वाट माड्डुपाची
एक वेगळीच मस्ती
गांवां - शारां रस्त्याक
येवची ना सर तिची

इंजिन गाडी

रानांतल्यान गांवांकडेन
गांवांतल्यान शारांकडेन
कांय न्हय करून वाट काडी
झूक-झूक करीत
इंजिन गाडी

गरमेन हुस्स - फुस्स करीत
मनशांची वर्जी झेलीत
बोगद्यांतल्यान वाट झेलीत
पलतडचे वाटेक लागी
लपक -झपक करीत
इंजिन गाडी

पावसा घोगे घेवन माथ्यार
धबधब्यांचो सोंशीत शिंतोड

शिंयाचें चोरीत आंग
पृथ्वी भोंवडेक नेटान चल्ली
सटाक झटाक करीत
इंजिन गाडी

कूंक करीत हुंकार दीत
लायत मनशांमदलो
एकचार वाडीक
जगपाचो सांगीत अर्थ
रुळावेल्यान निरंतर धांवत
खुशालकायेन घालीत शिळोणी
झूकझूक, कूक-कूक,
लपक-झपक
सटाक-झटाक करीत
वळणां वळणांनी चल्ली
इंजिन गाडी

मन म्हजें

मन म्हजें
ल्हारांर स्वार
दर्या - दर्या भोंवता
वेंगावन
क्षितीजाची निळाय
सांसपीत
दर्याची खोलाय

भोवऱ्यान
घेवन फिरकी
घुंव घुंव घुंवडायलें
मनाक,
दर्याचें पळोवन
अथांग तळ
भानार आयलें
खिणांत

क्रोतोन

पयल्या पावसाचो
झेलीत शिंवर
धुंद उबीं बागेंत
झाडा - पेडां

पळोवन तांचे
स्वच्छंदी नखरे
बंदिस्त व्हरांड्यातलो
क्रोतोन मात झिंगला
दुस्वासान आनी खंतीन

सर्ग

निळनिळशी विरळ - धुंसर
धुक्याची चादर
पांगरून न्हिदली सुस्त
पाचवीचार पालय

विरगळ्ळो
समस्त आसमंत
ल्हवूच तिचे कुशींत
निस्तब्द

सुर्य किर्णांची
जादुई किमया
सप्तरंग उधळ्ळे धर्तरेर
हाडली सर्गाची सया

माकडाचें लगीन

पिक्याच हळदुव्या वतान
माकडा लगीन लागलां
झिरमिरी पावसान
उडयल्या अक्षता
बेंडबाजो गडगडटा
जोगलां मारून फोटे काडटा

नळ्यांचेर टपटप
पायपांतल्यान घसघस
पावसान धरला मधूर ताल
चलता पळय तिरपी चाल

स्पर्शान धादोस ओली माती
परमळांत पिश्यो कश्यो
उसवत वतात यादी

ओलेतीं झाडां
लजेन आकुळळ्यां पानापानांचेर
नकेत्रां लिकलिकल्यां

रातराणी

घमघम चांदणी
रातराणी
नाग बाये धोलता
तिच्या मुळांनी

अत्तराचे फावे
तिच्या आंगानी
फुलांचीं नकेत्रां
उठून दिसता लाखांनी

काळखे रातीक फुलयता
चंद्रिमाकूय भुलयता
नाजूक बांदावळीची
गोरी अप्सरा जशी

अंतर

आम आदमी आनी
सुणो हांचेमदीं
थोडेंच अंतर
दोगांयच्या गळ्यांत
आसतात सरपळ्यो
एकट्याची भांगराची,
दुसऱ्याची लोखणाची
एकलो अन्यायाआड
जाब विचारीना,
दुसरो विचारता
पूण, अन्याय करप्याक
समजना

पावसाचें गीत

पांख्यार टपटप
पावस नाचता
मोराच्या पांखांचे
दोळे हांसता

पनेळ मोगाचें
गीत गायता
म्हज्या घराचें
आंगण शिंपता

पान्वेल

खरखरीत पणसाचेर
पसवल्या
घसघशीत पानवेल
तुकतुकीत पानांची
उठावदार शिरेची
पाचव्याचार आंगाची
फांट्या फांट्यांनी फुल्ल्या
शिरंतरांनी धगधगता तिच्या
तांबडो रक्तवर्णी शिंवर
जडला तिजो जीव
पणसाच्या भोळेपणार

वादळ

वादळ जालें फिदा वाऱ्यार
मोयपासान गुतून ताच्या
व्हांवत रावलें गांवांगांवार

शक्तीचो आपले
पडलो ताका विसर
धांपून दोळे भरकटले
स्वच्छंदी वाऱ्यार

''पाळ म्हजो नेम
सैमान दिलो हुंकार
जुमानी नासतना वचशी फुडें
नश्ट जातलो तुजो फुडार''

वादळाचेर आकांत
जुवानीचो सांवार
सैमाचो तोडून नेम
गांवांगांवार हाडलो हुंवार

थकलो वारो
बसलो दर्यार
वादळ मात घुंवघुंवत
शिरकलें दर्यातळार

नश्ट जाली उमेद
नश्ट जाली शक्त
सरता जितलें वयर
तितलें रावलें बुडत

नातें

नातें इश्टागतीचें आसता
रगताच्या नात्यापरस दाट
सूख - दुख्खांच्या धाग्यांची
सोडयत ल्हवू गांठ

नातें इश्टागतीचें आसता
विचारांची देवाण - घेवाण
पडट्या काळांत इश्टांखातीर
जाता गंध झरोवपी साण

सॅंझ

मोराचें रुदन आर्त
शीम हुंपून येता गांवात
गांव खोसयेन फुलता
पळोवन मोर
कुथनेता - केंकेता
दुकां बाबडो गळयता
रानां कापून तुमी
केलो सांवार
रानां जालीं उजाड
म्हणून हांव पडलो गांवार
'सॅंझ' आयल्यार
तुमचीय गत जातली
म्हजे वरींच निराधार

सुरंगिणी

सुरंगांचो गोफ गुंथला
माळ गो सुरंगिणी
काळ्या आंबाड्यार बसला दिसता
नाग गो सायबिणी.

सुरंगिणीचो हळदी कोर
दोळ्यांत तुज्या नाचता मोर
पोल्यार गुलालाचो रंग
उधळ सायबिणी
काळ्या आंबाड्यार बसला दिसता
नाग गो सायबिणी.

पियाचो आसचो सांगात
सुरंगिणीचो मंद वास
जिवीत म्हजें कर
धादोस सायबिणी
काळ्या आंबाड्यार बसला दिसता
नाग गो सायबिणी

मस्ती पावस

सुरू जाली पावसाची
लुटुपुटू लडाय
खिणांत पावस
खिणांत वत
लागलो करूंक
मनशांची फकांडांय

गडगड मारलो
बिजूल नाचलें
वाऱ्यान मारली फूंक
झरझर धांवलीं
सरसर झडलीं
काळीं कुपां खूब

पावस

म्हाका आवडटा
पावसान चिप्प भिजूंक
पावसान भिजतना
रस्त्यावेल्या फोंडकुलांतल्या
उदकांत सपसप धांवूंक

पूण सात लेगीत आवडना म्हाका
भिजिल्ल्या आंगार
मम्माची तापसाणीं
आनी तिणें फोर्सान दिल्ल्या
थंडे - वखदांची कडवटसाण ।

यो रे पावस मामा

घोंग्यांनी योरे पावस मामा
शाळेक मागीर सुटी
मम्माचे वेंगेंत न्हिदतलें
करून अशी गुठली.

टिफिनांतली चॉकलेट -बिस्कीट
खावन आयला वीट
मम्माच्या हातचे आशेतां
गरम -गरम चपातीक

घोग्यांनी योरे पावस मामा
जोगलां मार खूब
कडकडपी जिवाक म्हज्या
मम्माची मोगा ऊब

मोबायल

दोन कित्याक?
एक आसा तें पुरो
म्हणटां म्हणटां 'तूं' आयलो
आनी घरच्या 'फोनाक'
कडेक काडून
सगळ्यांच्या गळ्यांतलो
तावीज जालो
घरांत, भायर
खंय वता थंय
तूच आसता सांगाती
तुजेर विस्वासून सगळे
वेव्हार करतात
व्हड आनी धाकटी
जाणट्यां पसून भुरग्यांमेरेन
गिरेस्तांपसून फुटक्यांमेरेन
तुवें लायलां पिशें
मोबायला विणें जिणें
जाता नाका शें

घर

देवकेळमो धोलता
म्हज्या घराचे वाटेर
नमळायेन बागोवन
येतल्यांक दिता येवकार

गेटीरूच फुलल्या
तांबडीच जास्वंद
कमर मोडीत धोलता वाऱ्यार
जशी कृष्णाची गवळण

रेखल्या रांगोळी
पारजतान दारार
जायेचो माटोव
हांसता तुळशी पेडार

शेंपडी हालयत हुमऱ्यार बसलां
काळ्याच दोळ्यांचें 'स्वीटी बाय'
परवानगेन ताचे तुमी
घरांत येवंक जाय

तुळशी पेडार

तुळशी पेडार
फुलवात पेट्टा
नितळ उजवाडान
तुळशीमूख हांसता

लिकलिकता दोळे तिचे
पळोवन घराचें घरपण
मनशांनी भरून
व्हांवतालें राजांगण

जाता धादोशी ती
आयकून शुभंकरोती
आनी घरच्यांचें एकामेकांकडेन
मोगाळ भाशण

राजकुंवर

सदांच दिसतालें
राजकुंवर येतलो एक दीस
मनार जावन स्वार
वतलो घेवन पयस
जंय मोग अपरंपार

खरेंच एक दीस
आयलो राजकुंवर
घेवन गेलो पयस
एके नवखे दुनियेंत
पूण मन मात उरलें थंयच
कुळारच्या कुळागरांत
वाट पळयत
सपनांतल्या राजकुंवराची...

यादी

सांजवेळा बशीच्या
घामेल्ल्या सिटार
गुंततना पोरण्यो यादी
तन जालें फुलार
मन जालें परतून
एकदां आंकवार

रचलो कुतुबमिनार
मोगांच्या यादींचो
ताका फुटलीं पाखां
संवण्यावरी भिरभिरत
आंगपांग शिरशिरायत
जुवानपण दिवन गेलीं

पोल्यार फुल्ले गुलाब
दोळ्यांत उसळ्ळे
लजेचे शिंवोर
केसांची कुरळी बट
हांसली मुमुरकी ओंठार

आनी थकिल्ल्या मनाक
तरतरी दिवन गेली
सांजवेळा बशीच्या
घामेल्ल्या सिटार

गांव

तेंप जालो गांव सोडलो
हांव जालों शारांतलो
पूण वार गांवाकडची
तुटलीना
आस गांवाकडची
सुटली ना

शारांतलो घुस्मट वारो
म्हाका घुस्मटायता
म्हजो नितळ गांव
म्हाका सादयता

तीं पाचवीं पाचवीं शेतां
खूळ खूळ करपी

बैलांचीं जोतां
निळ्या तळ्यांतली
धवीं फुल्ल साळकां
मळबान रांगोळी गिरोवपी
बक्यांचीं नाडेपेन्नां
ती न्हंये देगेवेलीं सोपणां
व्हड्यांतल्यान पलतडी वतना
मनान केल्लीं कवनां
एकामेकांचेर उदक उडोवन
झरीर न्हातना
केल्लीं फकांडां
सगळ्याक जीव आशेला
शारांतले बंदखणीक
जीव उबगला

कलयकार

कलयकार आयलो
कलयकार आयलो
कलय कलय
घुमयत आयदना
भट्टेन भगभगीत
उजो पेटय - पेटय

कलयकार आयलो
कलय कलय
बायलां - भुरगीं
जमतलीं वडामुळांत
बल्कावांतल्यो गजाली
फुलय - फुलय
वडामुळांत झोपाळे
धोलय -धोलय

कलयकार आयलो
कलय कलय
इंगळ्यार आयदनां
कडय - कडय
लेपडाय भितरल्यान
खतखतीत कलय कलय

कलयकार आयलो
कलय कलय
उज्याचे धगसाणी
कमरेवाल्याक उक्त्या आंगाक
टपटप हूम गळय - गळय
हातान चार पयशे
खेळय खेळय

माड

थरथरता माड
जालो म्हातारो
खांकता कुरूकुरू करून
मात्सो लागल्यार वारो

खिणां पडल्यां
आंगां - पांगार
पिराय ताची
वर्सां शंबर

मुळाय लागल्यां हालूंक
कमरेन बागवला
पाडेल्यांनी तर ताका
सामकोच सोडला

ताका लायिल्ली धिगी
ताच्या वजनान पेचल्या
तरीय पळय कळशायेद्या
नाल्लांनी घसघसला

भान

भांगराळें संवणें तूं
उडटना मळबांत
सगळीं तोखेतलीं
गोपांत धरूंक
तुका आशेतलीं
पूण दवर सदांच
भान तूं काळाचे
वाऱ्यार विरगळपी
मळबांतल्या कुपांचें

तिसरेकान्न

तिसरेकान्न 'हांव' रोझी
फांतोडेची न्हीद, सारून कुशी
पेजेचो पिवून नीस
चलता वाट, दर्यावेळेची

चोय आमकां लागून सरला
फाटीं, दर्या चार वेतां
चोयवाटेन उदेल्यां
तिसऱ्यांचीं थिकां

तिसऱ्यांनी पाटुलो
आखखो भरतां हांव
फातरां - करपांनी
केले जरी घांव

'जाय गे, तिसऱ्यो जाय गे'
गांवांत घालीत वता साद
पाटल्यान तिसऱ्यो फुरफुरतात
एकामेकां कानांत

घमघमीत दांगोर तळात
करात तिसऱ्या मांसा कोडी
पळयतां पळयतां खपल्यो
म्हुगे तिसऱ्यां पोडी

मावशीबायन दिलें धोणस
तिमानान दिलीं सान्नां
असोच तांचो मोग आसचो
किरवंटीतूय पयशांचो
खळखळ पडचो

संवण्या पिला

मळबांत उडपाची
शक्त तुजी
संवण्या पिला
कवळी करून
बसूं नाका

नवी उमेद
जागय मनांत
हताश तूं
जावं नाका

तुज्या कर्तुबान
फुलय तुज्या
सपनांचो चंवर
फुडार तुजो
तुवेंच घडोवचो
हें मात मतींत दवर

नाग

गवताच्या गालीच्यार
तुजी नागमोडी हालचाल
करता मन घायाळ

अस्तित्व तुजें
वाडयता कंपनां काळजाचीं,
आनी दोळे मात करतात
अपुरबाय तुजी

तळया-तळया

तळ्या तळ्या
कित्याक गो तूं ओगी?
साळकांनी फुलपी तूं
कित्याक बाये दुखखी ?

आवंडो गिळीत
तळ्यान म्हणलें
'हांसूं कशें?
दोळ्यांतलीं दुंकां
पुसूं कशें ?'

आंगार म्हज्या
शेवाळ्याची खरड
बुड्डण लागल्या आंगाक
श्वास घुस्मटून
ताळ्याक लागल्या कोरड

कोयर - प्लास्टिकाचे ढीग
पेयतात आंगार
घाणीचे कुबसाणीन
जीव जाता फुगार

मनशांच्या बुरशेपणाक
शीम ना मेर
हे घाणीपोंदा घुस्मट्टा
साळकाचे पोर
बदकाक भोवूंक ना जागो
पावसानूय दिलो दगो
आंता कोणाच्या भरवंशार
हांव रावों?

ग्लोबलायजेशन

विज्ञानाचे तांकीर
संवसार जाला 'एक गांव'
अडचणींचेर करीत मात
परिपूर्ण, सुखसोयीनी युक्त
बटणाचे इशारतीर
चलता सगळे वेव्हार
उदेन्त- अस्तम, दक्षिण- उत्तर
गांवा- गांवां मदीं आता
उरले ना अंतर

ग्लोबलायजेशनान
संवसार हो भारला
पूण तितलोच मनीस
आत्मकेंद्रीत जाला

सोपे जाल्यात
देश- परदेशांतले वेव्हार
पूण ताणलां मात
मनशा- मनशां मदलें
भावनीक अंतर,
जिणेची वाडल्या गती
तातूंत मनीस चिड्डला
मनीसपण मरून
यंत्रमानव जाला
भावनाहीन, विकारग्रस्त
एकमेकांच्या सुख- दुख्खाकडेन
अलिप्त

पाडेली

खाडूंन गुथून पांय
कोयतेन मारीत
माडाचेर खांपां
पाडेली चडटा माडार
सरसर सरसर

पळोवन ताका
भियेली चानी
सरसर धांवली
ह्या चुडटावेल्यान
त्या चुडटार

बोटान मारून टिकल्यो
पाडेल्यान जोखले जून नाह्ल
'पैस' म्हण शेंवटिली,
नाह्ला गांथन माडामुळांत
ल्हवूच उडयली सकयल
एक एक करून
तन्नी आडसरां
जून चुडटां बेणलीं
'पांच' म्हूण 'देठ' मेजीत
कोयती खोवन कमराक
देंवलो माड झरझरा

भाटकारान 'देठ'
चुडटेर मेजले
मुंडकाराच्या 'देण्यातल्यान'
थोडे कुशीक काडले

अशें घडत?

कुचकुचीत भरिल्ले बशींत
घामापावळ्यो रकल्यो
बस केन्ना सोडटलो
म्हूण वाट पळवन थकल्यो

ढाम - ढूम कॅसेटींनी
तकली सामकी भेरेली
'फुडें वोस' 'फार्टी वोस'
कंडक्टराच्यो हुयेली

सोंपलें पासियेंस प्रवाशांचें
मारली ताकां भिरभिरी
उठले सगळे म्होवांमूस कशे
तुटून पडले भिरीभिरी

'राग' पळोवन कंडक्टराक
मारलो सामको कडकडो
'फूं' करून मारली पिल्लूक
ड्रायव्हरान सोडलो बशीचो घोडो

हे मना

हे मना
जा गो तूं साळोरी
गायत मधूर गीत
करून उडय होळी
चिंतनाची

हे मना
गा तूं गीत स्फुर्तीचें
तन - मनांत
उमेद खेळयत
थकिल्ल्या - शेणिल्ल्या
मनांत पेटय
लख्ख दिवे यत्नाचे
उजळावन मनाचें
काळखें कुरकूट
सपन घडय
फुडाराचें

मोर-लांडोर

एकदां मोरार
जाली फुगार लांडोर
''हांव कितली कुरूप
तूं मात चंद्रकोर

रंगान पितारल्या
तुजीं पाखां
पळयता ताची
थारता तुजेर नदर

म्हाका मात कोण
करना लागीं
म्हजें अस्तित्वच''
विसरल्यांत सगळीं

मोराच्या जिवाक
लागले तिचें उतर
लागीं ओडून म्हणले ताणें
''ना गो बाय
आनीक कोण नाका म्हाका
तूच गो जाय
लोकांचें तूं सोड
म्हाका तूंच व्हड''

करणी

सोऱ्यान धूंद मध्यानेर
तूं लोळटा गटारांत
भुरगीं भुकेन तळमळटात
बायल दुकां व्हावयत पोल्यार
वाट जोखता बल्कांवांत

तुजें दुख्ख जळोवंक
तुवें धरली सोऱ्या वाट
आनी संवसाराकडेन
केली फाट

म्हणतात,
दुस्मानान जावन तुजी नसाय
केल्या खंय तुजेर करणी,
मात्सी नदर मार रे भोंवतणी
भुकेन आनी लजेन
तुजी बायल- भुरगीं
जळटात दिसा कणकणी

तुका मानचेंच पडटलें
तांचे दुर्दशेक कारण
तुजीच अंदाधुंद करणी

नशीब

' शोफर ड्रायव्हान'
गाडयेंत भोंवपी
सुण्याक पळोवन
जीव सामको
जळफळ्ळो,
पूण ताच्या
गळ्यांतल्या
पट्ट्याक पळोवन
दिसलें
हांव आसा तोच बरो

न्हंयचें दुख्ख

दुकां झरींनी
रडली 'न्हंय'
बोटां मोडीत
म्हणलें लोकांनी
'बुडटी' आयल्या
पळय

यो रे यो रे मोरा

रान रान भोंवलें हांव
ना म्हाका तूं गावलो ना
पावलां थकलीं, नदर शिणली
तुजी सांवळी लेगीत दिसली ना

तुज्या रुपान लायलें पिशें
सप्तरंगी पाखां फुलोवन
थुई थुई तुजो नाच
पळयले बगर रावू कशें ?

तुज्या आवजाची लागता सुलूस
काळीजूय जाता भुल्लूस
किद्याक लावन मनाक आस
लिपचेल्यांनी खेळपाचो सोस?

यो रे मोरा यो
पावसाळ्याच्या थेंब्या - थेंब्याक
तुज्या नर्तनाची आस रे
पाखां फुलोवन नाच
समज काळजाची भास रे
मुक्त रंगान भिजयत
बदल संसाराचो नूर रे

उदक

थेंब थेंब उदका खातीर
कितली करची वणवण
पावस जावं गीम
सदांच आसता उदकाची चणचण

घरांतल्या नळाक
कुथनेपाची संवय
रस्त्यार पायपां फुटून
व्हांवत फुटकी न्हंय

उदकाक आयलां
मोल भांगराचें
गिमान तर उदका खातीर
तळमळे काडपाचे

दुर्लक्षीत बांयो
आडयल्ल्यो न्हंयो
उदरगतीच्या नांवान
सैमाच्यो भोयो

आडायात उदकाची नाशाडी
नाजाल्यार जातली फुगार धर्तरी
उदरांतलें आटोवन उदक
बुद्द घडयतली सासणाची

चवथ

चवथ आयली
घरांत आयलो गणपती
थर्माकोलाच्या मखरांत
चांदी -फुलीच्या पाटार
घालून बसला आसरमांडी
मण मण करीत भटमामान
भटपण केलें
गणपतीच्या सगळें
तखलेवेल्यान गेलें,
टीव्ही - रेडिओर
सिनेमां पदांची घणघण
गणपतीच्या हड्ड्यांत
वाडलो कलकल

सांज जाली तरी
ना आरती,
ना नैवेद्याचो पत्तो,
रांदचे कुडींत बायलांच्या
गजालींक आयला ओतो
गणपतीच्या पोटांत
भुकेक खतखतो
वाट पळोवन पळोवन
हुंदराकूय आयलो बेजार
गणपतीक दाखयले शिवाय
ताकाय खावंक मेळना फळार

खीण

खीण सुखाचे, खीण दुखाचे
खीण ओठार हांसो हाडपी
खीण काळजा कोनशान जळपी
खीण लजेन मान सकयल घालपी
खीण तायट मानेन जगूंक दिवपी
खीण मोगान चंवरिल्ले
खीण रागान थरथरिल्ले
खीण दिवपी, घेवपी
खीण पराभवाचे, जैताचे
खीण जिवनाचे, मरणाचे
खीण - खीण
ओतात लिखणेंत
तुमचे वांगडा
मातयेंत मेळचे आदीं
सासणाचे दवरात यादींत

हरयाळी

हरयाळी आंगणांतली
लुसलुशीत गादी
उक्त्या पांयान भोंवतना
मनाकूय करता खातकुतली

हरयाळी पाचवीचार
वाऱ्यार ल्हारेता शिरशिरी
थकिल्ल्या तना -मनांक
दिता उमेदीची तरतरी

मन पिशें मन

सायल्याच्या बनांत
व्हावता वारो सनसन
फाफशीत पानां
कोणाक सोदता
कोण कोण

सायल्याच्या बनांत
कोगूळ गायता
मीर्ग गान
आपा - लिपा खेळून
झिरी मिरी पानान

सायल्याच्या बनांत
भुरुभुरू उडटा केस
सावरीत पदर
कोण सोदता
कोणाक कोण

सायल्याच्या बनांत
भोंवता मन म्हजें
पिशें मन
कोगळाच्या सुरांत
मेळोवंक सूर

अधिकार

हय रे
म्हज्या नाका - दोळ्यांचो
काळजा - सर्वांगाचो
तूंच दावेदार
पुणून एकूच दी
मेकळीक म्हाका,
म्हज्या विचारांचेर
आसूंदी फकत
म्हजोच अधिकार

अस्तित्व

दोन कुपां बळिश्ट
खेळटां खेळटां
झगडलीं,
रागान ढुस्स
एकामेकांक भिडलीं
पूण काकूळट तांची
विरगळून गेलीं
जालीं अस्तित्वहीन
जालीं धर्तरेचे
मातयेंत विलीन

भुरग्यांनी

ऑफिसांत
कामाच्या भोंवऱ्यांत
आसलें जरीं
तुमची याद सतायता
तुमची जतनाय घेवंक
फोनावयल्यान
कामवालेक जागयतां

व्हडें

खोल दर्यांत
व्हडें धोलता
दर्याच्या पोल्यार
काळो तिबो सोबता

ग्रहशांती

ग्रहशांती करूंक
केलो हजारांनी खर्च
पूजा जाली भटमाम गेलो
आनी घर निवळ करूंक
सुरू जालें झूज
एकमेकांचीं
उणीं -दुणीं काडलीं
श्राप सोडीत
तोंडाची खाज भागयली
घरांत पसरली झुजा उपरांत
किण्ण शांती
ग्रहांचे खबर ना
पूण भुरगीं मात
भिवून जालीं अशांत

ध्यास

आमचे जिणेचें प्रतिक
फुलचें - फळचें
ही आस बाळगून
मनान केल्लो त्याग
येवचें फळाक
यत्न प्रतिकाचे
जावचे सफळ
लाबचें येस
दर पावलार
हीच आस
होच ध्यास

निश्चेव

आळवाच्या पानार
एक दवा 'थेंबो'
निश्चेवान पानार दसून रावलो
निश्चेवान ताच्या,
पान लेगीत हाल्लेंना
वारो लेगीत आयलोना
थेंब उबो नेटान
लिकलिकता आळवापानार

बरी विचार

चिंतप घडयता मनीस
जाचे ठांय व्हावता
झरो मोगाचो
चिंतप घडयता राकेस
जो व्हांवयता
पाट रगताचो

एकूच विचार
किट्टी पेटूंक
हांसतें -खेळतें घर
उज्यांत लासूंक
एकूच विचार
जाता ध्यास
जीण घडोवंक
करता हर प्रयास
होच विचार उखलचो
दवरचो घट्ट मतींत
यत्नांचो दिवो पेटोवन
प्रणाम ताका करचो

सल

मनाआड घडटकूच
दिसभर सलता मनाक
उतरांनी कित्‌र्लेय
समजायलें तरीय
काळाचे व्हांवते न्हंयंत
न्हालेबगर
सूख मेळना जिवाक

सैमचित्र

दोंगुल्ले धडेर
ओणव घेवन सुर्या
टूकटूक तोखेता
आपलेंच प्रतिबिंब
निळे तळयेंत
साळकां धोलतात
सुर्याचें रूप
साठयंत दोळ्यांत
साळकांच्या मुरगुटपांत
भंवर चाळवल्या
घुंवघुंव घुंवत
तळ्यार थिरावल्या

जिणेची अर्थ

आयलें घरा
बंद केली दारां
खालें - जेवलें - न्हिदलें
अळणी अर्थहीन
ही जीण

अर्थ हाडूंक जिणेक
करात मोग सैमाचो
झाडां पेडांचे गर्दींत
घेयात स्वास सुखाचो

उक्त्या आंगणांत
झेलात शिंवोर पावसाचो
फुलां फुलां मदीं नाचून
आनंद पियात परमळाचो

करात मोग
सैमान जल्माक
घाल्ल्या प्रत्येकाचो
मनशांचो, जिवांचो, किडींचो
पावस -गिमाचो, न्हंय - दर्याचो
शेजारी -पाजाऱ्यांचो
बंद पांदरो उगडून
मळबांत उडटल्या पाखरांचो
निमणें तुमचे कुडींत
वास करपी ईश्वराचो

विस्वास

विस्वास आसचो
पूण न्हय 'कुड्डो'
दोळ्यार बांदून पट्टी
घाण्याचो बैलसो
बेठी तकली हालोवपी

गिन्यानी आसूनय
अज्ञानांत लोळपी
मती घाण दवरून
निखटो विस्वास करपी
दोळे आसूनय
कुड्डेंपणा करपी
अंध विस्वासी

अशांची जातली गत
शंभर पुतांक जल्म दिवनय
निमणी निपुत्रक उरपी
कुड्ड्या मोगान
दोळ्यांक फाळी बांदून
आवयच्या कर्तव्याक
फाट करपी
राजमाता गांधारी वरी

म्हजी याद

म्हजी याद
तुजे यादीन घुस्पल्या
आनी हांव जालां 'येंडें'
ना चिंतपाची बुध्द
ना उलोवपाची सूद
ना जेवणाची भूक
ना उदकाची तान
हांव जालां 'येंडें'
थोमणो मारपी
लोकांच्या उतरांक
म्हजे कान 'भेड्डे'

देवी

देवीचें रूप
आयज चान्न्यावरी फुल्लां
तिच्या ओंठांवेलो हांसो
दोळ्यांतल्यान झिरपला
नवे वास्तूंत तिचो प्रवेश
भरभराट जावची
होच तिचो हावेस
देवीचेर दवरात तुमी श्रध्दा
राखात तिची मान -मर्यादा
तोखणाय करात
तिच्या रूप - गुणांची
तिचे सृजनतेची,
तृप्ततायेचो आशिर्वाद तिचो
संवसार सगळो
कृतार्थ जावचो

झरी

कठोर उतरांनी रडोवपी
तुज्या फातरा काळजांत
एक शितळ उदकाचो
झरोय झिरपता
कळ्ळें तेन्ना
हांवूय मुक्त भिजलें
झऱ्या उदकान
काळीज मेकळें करून
मोरपांखांवरी ल्हवपीक जावन

ल्हार

गाज गाजयत
आयलें ल्हार
पांयांपोंदची
ओडीत रेंव
म्हाकाय ओडलें
उदकांत
भिजले पांय म्हजे
भिजलें चिप्प आंग
पांय बुडोवंक भियेवपी
न्हालें मनसोक्त हांव

वर्सां

वर्सां वतात कापसावरी
फुस्स हुबून
जिणे कणकणी
यादी पेण्यार
आपली कुरू दवरून

वर्सांय हीं पुस्तकावरी
पानांपुरतींच वाचूंक येतात
दर फाटल्या पानाचेर
करणेचो इतिहास उरता

काळजाचे धडधडपी
पाटयेर
ह्या पानांवेलीं चित्रां
थोडीं ठळक, थोडीं धुंसर
मात्सी तकली ताणल्यार
उबी रावतात दोळ्यां सामकार

सांबाळून दवर

मुठींत दवर भूतकाळ सांबाळून
वेळ मेळता तेन्ना पळय उगडून
लिपल्या भुतकाळांत बुन्याद तुज्या
येस आनी अपेसाची
साबूत कर्तुपाची जडण - घडण
फाफूड जळमटां
जावचे पयलीं जीर्ण

भविष्याच्या उजवाडाफुडें
भूतकाळाचो काळोख विसरूं नाका
नाका विसरूं मातृत्वाचो
मोरपंखी स्पर्श
पावला -पावलार सांबाळपी
पितृत्वाचो हर्ष

येसाच्या तेमकार मनीसपणाची
याद दिवपी भूतकाळ विसरूं नाका
वर्तमान घडोवंक सोपणा जाल्ल्या
त्या भूतकाळाक याद दवर सदांच

शीण

तूं कितलोय शिणलो जरी
उदकाक
तें जाय तेन्ना येतलें
पावस जावन, काळ्या कुपांत बसून

येतलें तेन्ना घेवन येतलें
वादळ वाऱ्याक
येवन तुज्यो बांयो - न्हंयो
भरभरून व्हावयतलें

मागीर वतना
तुजी खोंपूय ओडून व्हरतलें
धोंपरभर उदकांत
तुजीं शेतां बुडोवन
तुज्या दोळ्यांतूय उदक
भरून वतलें

म्हज्या पुता

जावचो तूं
म्हूण केल्ल्यो आंगवण्यो
उपास आनी तपास
ताळयेचो फोड कसो
जपलें तुकां करून
हाडाचीं काडां
बेणलें म्हाका
हाडूंक शक्त
तुज्या शक्तीहीन
पाखांक
आतां म्हजें अस्तित्व
जाला बेनुळ्ळ
तुज्या नव्या संवसाराक
देखून तुवें मोखलें म्हाका
ह्या 'वृध्दाश्रमांत'

रांगोळी

ही रांगोळी
म्हज्या आंगणांत
एक शीम
रावणाक नदरेच्या
थांबयता शिमेपलतडीं

इंद्रधोणू

मळब जालें ल्हव
काळीं कुपां झडोवन
रंगारी सुर्यान
सोदलें रंग पावसा थेंब्यान
खेळयत होळी
सप्तरंगांची
पितारलें इंद्रधोणू
दोंगरा माथ्यार
भवसागरार मोहीत जाली
वसुंधरा
लज्जेन मुक्तरंग
फुलले तिच्या ओल्या पोल्यार

तूं

तुजें एक एक रूप
याद करतना
इतलो विरोधभास जावचो
तूं एकूच काय अनेक
मनाक प्रस्न पडचो

देव

हावें सोदलें तुका
जमनीर, उदकांत
आनी अथांग मळबांत

जोडलें हावें
भरपूर भांडवल
बांदलीं देवळां, केलो दानधर्म
सगळें सोडून मागीर,
आपणायलो हिमालय
सोदीत उल्लो तुजें अस्तित्व
जिणेच्या अंतामेरेन
पूण, हाय रे देवा
आशिल्लो तूं म्हजेसरीच
म्हज्या काळजांत

पळेयलें तुका हावें कूड सोडटना,
निमण्या खिणाक
तडफड जिवाची थांबली तेन्ना

कृष्णा

कृष्णा तुज्या
निळ्या दोळ्यांत
मोगाचो अथांग सागर
पेंवता तो जाता पावन
बुडटा तो जाता अमर

कृष्णा तुजी बांसुरी
म्होवाळ रसवंती
सुरांची फुलयत गितां
रंगयता शेणिल्ल्या मनात प्रीती

कृष्णा तुजीं पायजणां

वाजता छून छूना
कासावीस जायत राधा
सोडून आयली
सगळीं बंधना

कृष्णा तुज्या भक्तीरसांत
ओढ आवयच्या दूदाची
भगवत गीतेचें वरदान दिवन
केली अमर हिंदू संस्कृती

ऊठ गोंयकारा

सुरिंगाच्या आवाजान
गोंयची भूंय देखणी थरथरली
बुकलीनाच्या घाव्यांनी
तिची तुकतुकीत कात धुळीन माखली

पाचव्याचार शालूचें करून वस्त्रहरण
गोंयच्या ठेकेदारांनी
आवयचीच लज काडली
पियेले जे आवयचें दूद
तिचींच थानां कचाकच कापलीं

उदरगतीचो घालून मुखवटो
केलो तिचो घुस्मट
स्वताच्या पोटाचीं खळगीं भरूंक
आपले मांयभूंयेक
विदेशी गुन्यांवकारांक विकली
ना केली केन्ना कुयदाद तिची
सुंदरकायेचें करून भांडवल
भरपूर माया मात जोडली

कितली क्रूर विटंबणां
तिच्या पोटच्या पोरांनीच केली

दर्यादिगो ह्या गोंयकारांक
जाल्यात परकी
पर्यटनाच्या नांवाखाला
हांगा चलतात काळे धंदे
आनी रेव्ह पार्टी
मांयभूंयेक वांचोवपाची
जबाबदारी आतां आमची

इतले तेप मिरयलें
सुशेगादपणाचें पोकेंपण
शेवटून दिवया पिशेपण हें
घेवन हातांत बंडाचें निशाण

गोंयकारा जावया सादूर
ठेकेदाराचीं शाणपणां ना आयकुपाचीं
आमचें बरेंपण सांबाळपाक
ना गरज आमकां ह्या नरकासुरांची
आमी तुमचेच,
सगळें तुमचे खातीरूच
म्हणटां म्हणटां
तांणीच आमचे फाटींत सुरी तोपची?

प्रीती

आगो रुपमती
चलता कित्याक
धृवगती?
फाटल्यान वळून
पळय मात्सें
करता तुजे
हांव निर्मळ प्रीती

तुज्या सुखांत
हांव धादोशी
रावतां तुज्या दुख्खां
जावंक भागी

उतर दिगो म्हाका
तुजेखातीर
हाडटां मळबांतल्यो
चान्न्या राशी

उड रे पाख्या

घूं घूं करीत
उड रे पाख्या
फुलां - फुलांर
चोखीत अमृत मोगाचें

पराग कण झेलीत पाख्या
कूस फुलांची किल्लयत
सादय किमया उत्पत्तीची

उड रे पाख्या
घूं घूं करीत

स्वातंत्र्य

फिरग्यांनी रोयलें
'बीं' वेगळेचाराचें
गरगरीत वाडलें
तळागळ्यांत रोमून पाळां
रूख जावन मळबाक तेंकले

गर्द फांद्यांमदीं
घराबो पोसता आतंकाचो
मंत्री संत्री सावळेक बसून
खेळटा खेळ
बुरशा राजकारणाचो,

करीत ढाल
धर्मधलें खोर जुवाळ्यांची
फळां खावयत कलहाची
रणखेव घडयता
करता वाताहात भारतभुंयेची

एकवटाचें प्रतीक
आमचो भारत देस
पातळटालो चोंयवटेन
धर्मनिरपेक्षतायेचो संदेश

स्वातंत्र्या खातीर गेले
पुर्वज बळी
पूण स्वार्थाखातीर करतात हांगां
त्याच स्वातंत्र्याची पांयमल्ली

वेळ वचचे पयलीं
जावचे आमी जागे
हुमटावन रूख वेगळेचाराचो
परतून एकदां रोवचो
बावटो एकवटाचो

मनीस

गर्भकूड आवयची
अर्भक विश्टेन भश्टायता
स्वाभावीकपणान
ममता आवयची
माफ ताका करता

पूण तेंच अर्भक
जावन मनीस बुध्दीमान
न्हंयरुपी मातेच्या
गर्भांत सोडटा
आपली विश्टा
तेन्ना हतबल

ही जगन्माता
ताका दुशण लेगीत
दिवंक शकना,
गळयत दुकां असहाय्यतेचीं
सोंसता मरण यातना

बुध्दीची घमेंड
मनशाक,
मात लेगीत तो चिंतिना
धांकून दोळे
पिता दुशीत जल
दिता असाध्य
रोगांक आमंत्रण

कुवाडें

मोनो मोग म्हजो
मोगरे कळ्यावरी
सांगूक तुका जमलोना
सुगंध कळ्यान
उरलो धांपून
फुलूंक कसोच पावलो ना

ना केली हांवें
उतरांची भास
नदरेंतलें गुपीत
तुका कळ्ळें ना

आयुश्य तुका
ओंपचें म्हण
चिंतलें हांवें
मनान तुजेंच
जावन रावलें
पूण सांगूंक तुका शकलें ना

शेणत रावलें
भिरंगेवरी घुंवत रावलें
जिणेच्या कुवाड्यांत
निमण्या पावंड्यार
उबी जीण
मोगाचें कुवाडें
मात सुटलें ना

पावसाचें नाडेपेन्न

नाडेपेन्न पावसाचें
सांज सकाळ
सगळ्यांक भिजोवंक
संद ताका जाय

ना वादळ
ना वारें
अकस्मात घेवन
येता थेंबाचें भिरें

धावडायत वता
सगळ्यांक जळामळां
किटी किटी हांसत
हाडटा भिजोवन
आंगार शिरशिरें

कुड्डो मोग

प्रत्येक गजाल
पारखून घेतली तुवें
ना पारखिलो
मात मोग
सोबीत खुमण्याक
भुल्लो तूं
कुरूप मनाक
ना देखलें तुवें,
आतां वांट्याक
आयलां तें भोग

म्हणटात मोग
आसता कुड्डो,
असलो कुड्डो मोग
जायो कित्याक
जो जिणेक
लायता भड्डो

अधर्माचरण

निरागस अबोध नात
अश्लील सिनेगीतांच्या तालार
करीत विक्षिप्त हावभाव
भेंड मोडटा माचयेर

सभाघरांतल्या शिळोण्यांनी
भरून येता गर्वान
आज्जे -पणजेचें हड्डें
'तुळशीक' दारांतले
वीख वासनेन शिंपत
अनैतिकतायेचे दितात धडे

आवय बापायचेर आयला
आधुनिकतायेचो सांवार
निरागस मनान
रुजत घालता वासनेचो विकार

सर्तींच्या बाजारांत
नाका विकूं तिचें नेणारपण
आत्मविस्वासाचो फुलोवंक पाखाटो
दिवचे तिका मुक्त आंगण

शिल्पकाराची मती जशी
तशी 'शिल्पाची' घडण
तुळशीपेडार पेटोवन सत्वज्योत
करची तिका शिरवंत
कौस्तुभ जावन जिखतली
जगाचें अंतस्करण

पूण नीती शास्त्राचें बदल्लां समीकरण
कुडीचें करतात असैमीक प्रदर्शन
आपणायलां अधर्माचरण
समाजान मोठ्या सन्मानान

डळमळीत जाल्या
संस्काराची बुन्याद
संस्कार करपीच जंय फितूर
थंय कोणाकडेन करची फिर्याद?

हांव

मळबान म्हज्या घरार
केल्या चान्न्याची बरसात
म्हाका मात आस चंद्रीमाची
लक्तुबाय चंद्रार आशिल्ल्या
काळ्या फोंडकुलांची

हांव नुस्तें दर्यांतलें
भांगराळ्या खवलांचें
म्हाका मात आस जमनीची
वाऱ्याची, झाडांची, मातयेची
आनी म्हाका गरोवंक
बशिल्ल्या मनशांची

नृत्य, नाटक, चित्रकलेंत रंगपी कवियत्री सरस्वती नायक भुरग्यां खातीर काणयो, कवनुलां, कविता बरयतना तितलीच रंगून वता. कोंकणी आनी हिंदीतल्यान बरप, वण्टी पत्रक स्तींत तशेंच सरस्वती सेवक मंडळाच्या कविता स्तींत इनामां मेळ्ळयांत. बिम्ब, जैत, कोंकणी, बारदेस, कोंकण टायम्स आनी सुनापरान्तांतल्यान सातत्यान कविता बरयतात. 'काणयेचें पेटूल' हें बाल - काणयांचें पुस्तक प्रकाशीत जालां.